आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक  खबरो

Date :28 /0४/2025

7.20 pm

मुखेल खबरो

- नगरपालिका वाठारांतले मेकळ्या सुवातांचो ग्रीन लंग्स म्हल्यार झाडां लावन रानाची उदरगत करपाचे प्रस्तावाखातीर राज्यांतल्या नागरिकां कडल्यान सुचवण्यो मागयल्यात.
- मार्च म्हयन्यात  198 रस्त्या अपघात  जाल्यात अशी म्हायती येरादारी संचालनालयान दिल्या .
- भारतान आयज फ्रांसावांगड 26 राफेल झुजा विमानांखरेदीखातीर संरक्षण कबलात केली
- देशांतली नुस्त्याची निर्गत दुपेटीन वाडोवपाचें ध्येय साध्य करपाखातीर नुस्त्याचे उत्पादनमोल वाडवपासयत  मुळावी बांदावळ घटमूट करप खूब म्हत्वाचें आसा अशे केंद्रीय नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री राजीव रंजन सिंगान आयज सांगलें

--------

जावडेकर

हवामान शितळ राखपा खातीर नगरपालिका वाठारांतले मेकळ्या सुवातांचो ग्रीन लंग्स म्हणल्यार झाडां लावन रानाची उदरगत करपाचो प्रस्ताव आसा. हाका लागून राज्यांतल्या नागरिकां कडल्यान सुचवण्यो मागयल्यात. कार्यवाही खातीर रान खातें आनी नगरपालिका प्रशासन खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची समिती स्थापन करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली. रान मंत्री विश्वजित राणे हांचे अध्यक्षते खाला बसका जाली. हे बसकेंत येवजणेच्या कार्यवाहीचेर विचार केलो. स्टुडीओ पीओडी हे एजन्सीचे मजतीन प्रकल्पाची कार्यवाही जातली. नगरपालिका वाठारांतले मेकळे सुवातींचो सोद घेतले. हें काम नगरपालिकेक करचें पडटलें. नगरपालिकां कडल्यान सुचवण्यो मागयतले. मेकळ्या सुवातांचो सोद घेतले उपरांत टप्प्याटप्प्यांनी झाडां लावन ग्रीन लंग्स उबारतले. कार्यवाही तशेंच आढावो घेवपाक समिती स्थापन करपाचेर चर्चा जाली. मेकळ्या सुवातांचो सोद आनी सुचवण्यो आयले उपरांत फुडलीं कामां सुरू जातलीं, अशी म्हायती एका अधिकाऱ्यान दिली. नगरपालिकांक जो निधी दितात ताचो वापर

ग्रीन लंग्स खातीर करतले. गरज पडल्यार खास निधीची तरतूद करतले, अशी माहिती अधिकाऱ्यान दिली.

भारतान आयज फ्रांसावांगड 26 राफेल झुजा विमानांचे खरेदीखातीर संरक्षण कबलात केली . नवी दिल्लींत संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी फ्रेंच सशस्त्र दळाचे मंत्री सेबास्टियन लेकोर्नू हांणी संरक्षण कंबलातीचेर सयो केल्यात .

26 राफेल समुद्री विमानांतली 22 एक सीटर आनी चार दोन सीटर आसतली. भारतीय नौदळाच्या गरजा प्रमाण हीं डिझायन करून तयार करतले. राफेल मरीन विमानांक लागून, नौदलाचें बळगें आनीक वाडटलें आनी हीं झुजारी विमानां INS विक्रमादित्य आनी INS विक्रांत ह्या विमानवाहक जहाजांनी वापरतले. राफेलांत प्रगत शस्त्र प्रणाली आनी क्षेपणास्त्रां आसतलीं.

देशांतली नुस्त्याची निर्गत दुपेटीन वाडोवपाचें ध्येय सरकारान थारायलां आनी हे खातीर नुस्त्याचे उत्पादनमोल वाडवपासयत मुळावी बांदावळ घटमूट करप खूब म्हत्वाचें आसा अशे केंद्रीय नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री राजीव रंजन सिंगान आयज सांगलें .ताणी आयज मुंबयंत कोस्टल स्टेट्स मीट 2025 चें उक्तावण केलें.सध्या संवसारीक पांवड्यार नुस्तेमारी उत्पादनांत भारत दुसरे सुवातेर आसा आनी फाटल्या वर्सा वट्ट 184.02 लाख टन नुस्ते उत्पादन जालां, जें संवसारीक उत्पादनांतलें 8% इतले आसा अशी म्हायती तांणी दिली . भारताच्या दर्यादेगेवेल्या राज्यांनी आनी संघराज्यांनी नुस्तेमारी उत्पादनमोल वाडवपासयत मुळावी मुळावी बांदावळ घटमूट करून निर्गत दुप्पट करपा खातीर लक्ष केंद्रीत करचें अशें आवाहन तांणी केलें, हालींच भारताच्या नुस्तेमारी निर्गती खातीर जायत्या बाजारपेठांनी आपलीं दारां उक्तीं केल्यांत ही भारताखातीर बरी संद आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें.

केंद्र सरकारान नुस्तेमारी क्षेत्राक सशक्त करपाहेतान सुरू केल्ल्या वेगवेगळया येवजण्या आनी कार्यावळींचेर तांणी भर दिलो . भारताचे अर्थवेवस्थेंतच न्हय तर नुस्तेमारी समाजाच्या जिवितांत आनी फुडाराकय म्हत्वाचें योगदान दिवपाची ह्या क्षेत्रांत अफाट तांक आसा अशें तांणी स्पश्ट केलें. ह्या बसकेंत सगळया दर्यादेगेवेल्या राज्यां आनी संघराज्यांचे नुस्तेमारी मंत्री आनी हेर मानेस्त हाजिर आशीलले

येरादारी संचालनालयान मार्च 2025 वर्सा जारी केल्ल्या अपघात आनी चालनांचो म्हयन्याळो अहवाल तयार केला. ह्या म्हयन्यात 198 रस्त्यार अपघात जाले, तातूंतले 20 घातक अपघात 18 गंभीर अपघात जालयार 44 ल्हान अपघात आनी 116 जखमी नाशिल्ले अपघातंचो आसपव आसा अशे अहवालांत म्हळां.

रस्त्या अपघातांत मरण आयिल्ल्याची वट्ट संख्या 20 आसा 24 जाण गंभीर जखमी जाल्यात जाल्यार 65 जाणांक ल्हान जखमी जाल्यात .

मलेरिया डे

मलेरिया दुयेंती उणे करपाच्या रणनितीचेर भर दिवपा खातीर, दर वर्सा 25 एप्रीलाक संवसारीक मलेरिया दीस मनयतात. ह्या दिसाचो उगडास करपा खातीर राज्यभर जागृताय कार्यावळी आयोजीत करतात. हाचे फाटभुयेर फाल्या 29 एप्रिल 2025 दिसा सकाळीं 10.00 वरांचेर पणजेच्या इन्स्टिट्यूट मेनेझेस ब्रागांझाच्या सभाघरांत, राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळीचे आयोजन केला, अशी म्हायती भलायकी खात्यान दिल्या.

दिवचल नगरपालिका मंडळाची आज बसका जाली. हे बसकेंत स्टॅंडिंग कमिटीचेर नगरसेवक सुदन गोवेकर आनि रियाज बेग यांची बिनविरोध निवड जाली. दिवचल नगरपालिकेच्या आज झाल्या स्टॅंडिंग कमिटीचे बस्केत सुदन गोवेकर ,रियाज,बेग आणि रंजना वायंगणकर या तीन नगरसेवक अर्ज घेवन गेल्ले. मात रंजना वायगणकर हिणें आपलो अर्ज सादर करूंक नाशिल्ल्यान रियाज बेग आणि सुधन गोवेकर हे दिवचल नगरपालिकेच्या स्टॅंडिंग कमिटीचेर बिनविरोध वेंचून आयले. नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आणि पालिका मंडळाचे हेर सगळे नगरसेवक हजर हे वेळार हजर आसले. रियाज बेग आणि सुजन गोवेकर हाणीं नगरपालिकेचे स्टॅंडिंग कमिटीचेर बिनविरोध निवडून आयल्या खातीर पालिका मंडळाचे आभार मानले तसेच सगळे तरेचे मतभेद विसरून दिवचल शहराच्या उदरगती खातीर एकवटान आम्ही वावुरतले.

Dip

कारागिर प्रशिक्षण येवजणेखाला गोंय परिक्षा मंडळान मार्च 2025 त आयोजीत केल्ल्या स म्हयन्याच्या वेवसायिक अभ्यासक्रमांच्या अखिल गोंय वेवसायिक परिक्षेचो निकाल आयज जाहीर केला.

रवींद्र भवन साखळी हाणीं मुंबईचे नामनेचे लेखक ,दिग्दर्शक, गीतकार,आनी अभिनेते राजेश देशपांडे यांच्या पुढारपणाखाला नाट्य कार्यशाळा आयोजित केल्या .हे नाट्यकार्य शाळेत श्री राजेश देशपांडे हे लेखन दिग्दर्शन अभिनय संवादलेखन आणि नाट्य क्षेत्रातले हेर गजाली शिकयतले. ही नाट्य कार्यशाळा 30 एप्रिल 2025 मेरेन चलतली अशें रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष

दत्ताराम चीमूलकर हाणीं सांगलें.

साखळेच्या रवींद्र भवानात राजस्थान हांगासरली नामनेची राज योगिनी ब्रह्मकुमारी डॉक्टर उषा दीदी हांचे फाल्यां 29 एप्रिल दिसा व्याख्यान आयोजित केला. रवींद्र भवनाच्या श्री मनोहरबुवा शिरगावकर सभागृहात सांजे साडेसवरांचेर ही कार्यावळ जातली .हे कार्यशाळेत डॉक्टर उषा दीदी ताणतणाव व्यवस्थापन आणि आनंदाची संधी घेयात या विषयाचेर मार्गदर्शन करतली .चढानचढ लोकांनी हे कार्यावळीक हजर रावचें असे आवाहन साखळी रवींद्र भवन च्या आयोजकांनी केला.

तापमान

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३५.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २8 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.उत्तर आनी दक्षिण गोंयातल्या काय सुवातीनी आयज रातच्या वेळार. गडगड जावपाची शक्यताय पणजी वेधशाळेन उक्तायल्या. हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसांखातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास .फुडल्या ३ तें ४ दिसांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

जागृत गोंयकारांची फौज हे संस्थेवरवीं गायांच्या अस्तित्वा खातीर झगडपी सेर्जीओ कार्वाल्हो हांकां काल आयतारा बेताळभाटी हांगां दुखेस्त मरण आयलें. मरणावेळार तांची पिराय ८३ वर्सां आसली. तांच्या फाटल्यान घरकान्न फातिमा, पूत रायन आनी ध्रूव डॉ. कार्ला असो परिवार आसा. फाल्यां मंगळारा 29 एप्रीलाक सांजे 4 वरांचेर तांचेर निमाणे संस्कार जातले. ताचे आदीं बेतालभाटीच्या नोसा सिन्योरा दुस रेमेडियोस इगर्जेंत दनपारां 3.30 वरांचेर निमाणीं प्रार्थना जातलीं. पर्वरीच्या निर्मला इन्स्टिट्यूट हांगा ते शिकयताले. माथानी साल्ढाणा हांणी १९७५ वर्सां हातांत घेतिल्ल्या गोंयच्या रांपणकारांच्या आंदोलनाक कार्वाल्हो हांचो तेंको आशिल्लो. गायांतले अनियंत्रित पांच नखेत्री पर्यटन

आनी घुवळे वखदा वेव्हार हांच्या आड तांच्या जागृत गोंयकारांची फाैज ह्या संघटनेन मोटो आवाज उठयिल्लो .

30 एप्रिल 2025 दिसा कामत मेगामार्ट ताळगांव फिडराचेर ताकतिकेचें दुरूस्ती काम करपाचें आशिल्ल्यान सकाळी 9.00 ते दनपारां 2.00 वरा मेरेन दांडो, मॉडेल्स मरिन प्लाझा, भाटान आनी सरभोवतणच्या वाठारांत वीज पुरवण जावची ना. अशे वीज खात्यान कळीत केला

तशेच वीज खात्यान दुर्गावाडी ताळगांव हांगा राजदीप वृंदावन प्रकल्पाक वीज पुरवण करपा खातीर नवीन उबारिल्ले 630 केव्हीए ट्रान्सफॉर्मर केंद्र आनी जोडून आशिल्ली 11 केव्ही वीज यंत्रणां 28 एप्रिल दिसा चालू केल्यात आनी ह्यान फुडें ही वीज यंत्रणां तशीच चालू उरतली. ही वीज यंत्रणां मनशाच्या आनी जनावरांच्या जीवाक धोक्याची आशिल्ल्यान लोकांनी तांच्या संपर्कात येवपा पासून पयस रावचे अशे आवाहन केला

काल दिल्लींत जाल्ले दुसरे आशियाई योगासना सर्तींत भारतान इतिहासीक जैत जोडलें आनी 83 भांगरा पदकां जिखून भरतान पदक वळेरेत पायलि सुवत मेळयली जल्यार गोंयच्या विशाल गावस हाणे हे सरतीत 1 भांगार पदक जिकले

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे 7:30 वरांचेर जयपूरांतल्या सवाई मानसिंह मैदानार राजस्थान रॉयल्स आनी गुजरात टायटन्सपंगडा मजगती खेळ जातलो

नमस्कार